आकाशवाणी पणजी केंद्र

प्रादेशिक खबरा विभाग

१३.०५.२०२५ सकाळी ८.४०

प्रादेशिक खबरो

फुडल्या दिसांनी भारत पाकिस्तानाच्या दरेक हालचालीचेंर बारकायेन नदर दवरून ताचे मुल्यांकन करतलो, जाका लागून फुडली कृती ताच्या बांदीलकायेप्रमाण आसची म्हणून ऑपरेशन सिंदूर तात्पुरतें स्थगीत करप हो निष्कर्ष न्हय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. ऑपरेशन सिंदूर सुरू जाले उपरांत पयल्या तीन दिसांत पाकिस्तानाचे अपेक्षे परस चड लुकसाण जाले अशे काल सांजे व्हिडियो परिशदेवरवीं राष्ट्राक संबोधीत करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. भारताच्या आक्रमक प्रतिसादा उपरांत पाकिस्तानान हातुंतल्यान भायर सरपाचो मार्ग काडपाक संवसारीक समाजाक आवाहन करून तणाव उणो करपाचे मार्ग सोदपाक सुरवात केली अशें श्री मोदी हांणी नदरेक हाडलें. गंभीर लुकसाण जाले उपरांत पाकिस्तान लश्करान 10 मे दिसा भारताच्या लश्करी कारवाय महासंचालक म्हळ्यार -डीजीएमओ कडेन संपर्क सादलो अशें प्रधानमंत्री उक्तायलें. पाकिस्तानान आपल्या आवाहनांत भारता आड जावपी सगळ्यो आतंकवादी कार्यावळी आनी लश्करी आक्रमण बंद करपाची हमी दिल्या अशें श्री मोदी हांणी नदरेक हाडलें. ऑपरेशन सिंदूर हें फकत नांव न्हय तर लाखांनी भारतीयांच्या भावनांचें प्रतिबिंब आसा हाचेर प्रधानमंत्री मोदी हांणी भर दिलो. न्याया खातीर एक अखंड प्रतिज्ञा अशें प्रधानमंत्र्यानी ह्या कारवायेचें वर्णन केलां. सगळ्या तरांच्या आतंकवादाच्या झुजांत एकवट ही भारताची सगळ्यांत व्हडली तांक अशें सांगतना प्रधानमंत्र्यानी परत एक फावट सांगलें कि हो झुजाचो काळ न्हयचा पूण तो आतंकवादाचोय आसूंक शकना. आतंकवादाचेर शून्य सहिश्णुताय ही ब-या आनी सुरक्षीत संवसाराची हमी हाचेर तांणी भर दिलो. प्रधानमंत्र्यानी भारताच्या सुरक्षा सिध्दांताचे तीन मुखेल खांबे मांडतना पयलो खांबो म्हळ्यार निर्णायक प्रतिकार आशिल्ल्याचे सांगले. पाकिस्ताना कडेन खंयचीय उलोवणी फकत आतंकवादाचेर केंद्रीत आसतली आनी पाकिस्ताना कडेन जाल्ली खंयचीय वाटाघाटी पाकिस्तान व्याप्त काश्मीरा भोंवतणी केंद्रीत आसतली असो खर संदेश प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी संवसाराक दिलो.

भारताचे हवाई कार्यावळीचे महासंचालक एअर मार्शल एके भारती हांणी भारताचे झूज पाकिस्तानी लश्करी सैन्या आड न्हय तर आतंकवादी आनी तांच्या समर्थकां कडेन आसा हाचेर भर दिला. पाकिस्तानी लश्करान हस्तक्षेप करून आतंकवाद्यांक तेंको दिवपाचें थारायलें, ताका लागून भारतीय सशस्त्र दळाक ताचो बदलो घेवचो पडलो हें दुर्दैवी अशें तांणी सांगलें. काल नवी दिल्लींत ऑपरेशन सिंदूर विशीं प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना एअर मार्शल भारती हांणी ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारतीय सैन्यान देशांतल्या नागरी आनी लश्करी मुळाव्या साधनसुविधांचें उण्या प्रमाणांत लुकसाण केलें हाची सविस्तर म्हायती दिली. गृहमंत्री अमित शाहान भारतीय सशस्त्र दळाच्या अतुलनीय शौर्याक सलामी दिवन तांकां देशाची ढाल आनी दुस्मानाचो नाश करपी अशें म्हणलां. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्यांत मरण आयिल्ल्या लोकांच्या आत्म्याक न्याय दिवपा खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आदर्श फुडारपण केल्ल्या खातीर मंत्री शाहा हाणी सोशल मिडिया पोस्टांत परबीं दिल्यात. देशाचो खंयचोच दुस्मान ख्यास्त मेळानासतना वचूंक शकना हें मोदी हाणी सदांच सिध्द केलां अशे मंत्री शहा हाणी मुखार सांगले. तशेंच विदेश वेव्हार मंत्री एस जयशंकर हांणी प्रधानमंत्र्यानी राष्ट्रा मुखार केल्ल्या संबोधनाची तोखणाय करून ताका प्रेरणादायक अशें म्हणलें.

काल सांजे भारत आनी पाकिस्तान हांचे मदीं लश्करी कारवाय महासंचालक, डीजीएमओ पांवड्यार उलोवणी जाली. दोनूय वटांनी फारपेट करची न्हय वा एकामेकां आड कसलीच आक्रमक आनी दुस्मानपणाची कारवाय करची न्हय अशी बांदीलकाय तिगोवन दवरपा संबंदीत प्रस्नांचेर चर्चा जाल्ल्याचें भारतीय सैन्यान निवेदनांत म्हणलां. तशेंच शिमेवयल्या आनी फ्रंटलायन वाठारांतल्यान सैन्य उणें करपा खातीर बेगोबेग उपाय काडपाचो विचार दोनूय वटांनी मान्य केलो.

ऑपरेशन सिंदूरच्या यशा उपरांत भारतीय जनता पार्टी आयच्यान देशभरांत 11 दिसांची तिरंगा यात्रा घडोवन हाडटली. ह्या वेळार लोकांक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी सरकाराचें घटमूट फुडारपण आनी सशस्त्र दळांचें शौर्य सांगतले. समाजांतले नामनेचे वांगडी, माजी सैनिक आनी समाजसेवकय ह्या यात्रांत वांटो घेतले आनी ती 23 मे मेरेन चलतली.ही मोहीम पुरायपणान राजकी स्वरुपाची आसची ना

आनी समाजांतल्या सगळ्या वर्गांचो तेंको आशिल्ल्या विशयाचेर लोकांक एकठांय हाडपाची तांची इत्सा आसा अशें पक्षाच्या सुत्रांनी सांगलें.

जम्मू-काश्मीर विभागांतल्या शिमेवयल्या जिल्ह्यांतल्यो सोडून हेर शाळा आनी म्हाविद्यालयां आयच्यान सुरू करपाचो निर्णय जम्मू-काश्मीर सरकारान घेतला. शिक्षण मंत्री सकिना इतून काल सोशल मिडियाचेर पोस्ट करून ही म्हायती दिल्या. हालींच शिमेलागसार गोळीबार जाल्ल्या घडणुकां उपरांत परिस्थितीचो पुराय नियाळ घेतले उपरांत हो निर्णय घेतला. पूण विद्यार्थ्यांचे तशेंच कर्मचाऱ्यांचे सुरक्षे खातीर खबरदारी म्हणून शिमेवयल्या वाठारांतल्यो शिक्षणीक संस्था बंद उरतल्यो.

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगाल आनी झारखंडांत उश्णतेच्या ल्हारांची परिस्थिती पातळपाची शक्यताय उक्तायल्या. उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी बिहाराचेर उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा. उदेंत उत्तर प्रदेशांत राती उबदार परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. आयज उत्तर उदेंत राज्यां, केरळ, कर्नाटक, रायलासीमा, उदेंत राजस्थान, कोंकण आनी गोंय, गुजरात, मध्य महाराष्ट्र आनी मराठवाडा, छत्तीसगढ़, विदर्भा आनी ओडिशा वाठारानी गडगड, वीज आनी वादळी वा-या वांगडाच मध्यम ते व्हड पावसाची शक्यताय आसा. मेघालयांत उटंगाराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा. अंदमान दर्याच्या कांय वाठारांनी, बंगालाची दक्षिण खाडी आनी अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर आयज नैऋत्य पावस सुरू जावपाक परिस्थिती अनुकूल आसा अशें हवामान शास्त्रज्ञानी सांगलां.

भारतीय क्रिकेट नियंत्रण मंडळ- बीसीसीआयन इंडियन प्रिमियर लीग- आयपीएल 17 मे सावन परत सुरू जातली अशें जाहीर केलां.भारतान ऑपरेशन सिंदूर सुरू केल्या उपरांत 9 मेक  आयपीएल 2025 सप्तका खातीर स्थगीत केल्लें. रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी कोलकाता नाइट रायडर्स हांचे मदीं 17 मे क बेंगळुरूच्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर खेळटले. आयपीएल 2025 ची खंयचीच मॅच मोहाली आनी धर्मशाळात जावची ना. पयलीं अहमदाबादांत जावपा आशिल्ली पंजाब किंग्स आनी मुंबय इंडियन्स हांचे मदली मॅच आतां 26 मे क  जयपूरांत जातली. आयपीएल फायनल आतां 3 जूनाक जातली जाल्यार प्लेऑफ 29 मे

सावन जातली. थायलंड ओपन सुपर 500 सर्त आयज बँकॉकांत सुरू जातली. भारतीय शटलर आयुष शेट्टी आनी उन्नती हुडा तशेच लक्ष सेन ह्या सर्तीत वाटेकार जातले.

फुडल्या म्हयन्यांत सुरू जावपी एफआयएच प्रो लीग 2024-25 च्या युरोपीय लिगांत वांटो घेवपी 24 वांगड्याचो भारतीय बायलां पंगड हॉकी इंडियान जाहीर केलां.